गांधीजी

विश्व कोंकणी
बालसाहित्य माळा 5

गांधीजी

बरोवपी
जयश्री शानभाग

मुखेल संपादक
बस्ती वामन शेणै

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान (रि.)
विश्व कोंकणी केन्द्र, मंगळूर

गांधीजी

Gandhiji (Konkani) - a life-sketch for children written by Smt. Jayashree Shanbhag. Publishers: Konkani Language and Cultural Foundation (R), World Konkani Centre, Shakti Nagar, Mangalore.

First Print: 2011

पयली आवृत्ती : 2011
© कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान (रि.)

विश्व कोंकणी बाल साहित्य माळा प्रकाशन
गोवा कोंकणी अकादेमी
पाटो कॉलनी, पणजी, गोंय.

उजवाडावपी:
कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान (रि.)
विश्व कोंकणी केन्द्र, कोंकणी गांव, शक्तीनगर, मंगळूर

कला आनी अक्षर जुळणी:
विश्व कोंकणी केन्द्र,
साहित्य विभाग

मोल:
रू.: २०/-

प्रस्तावना

भारत देश ५००० वरसाचो इतिहास आनी प्राचीन संस्कृती आशिलो देश. ह्या महान देशांत हजारोहजार श्रेष्ठ दार्शनीक, राजा महाराजा, साहित्यकार, ज्ञानी, विज्ञानी, जल्माक आयल्याती. जगांतुले बुद्धिजीविंक, सरळ सामान्य लोकांक, दारल्यांक बायलांक, तर्नाट्यांक, चर्डुवांक तांगेले जीविताचे कार्य सिद्धीचे फल, जीविताचे संदेश आनी संसारांत चल्न येवची वाट आनी पायवाट सांगून दाकोव्न गेल्याती. भारतांत सनातन धर्म, बौद्ध, जैन, सिक्ख, इस्लांम, क्रैस्त धर्म आनी वेगवेगळे ध्येय, सिद्धांत आनी कार्यक्रम मांडोव्न घेतीले, राजकीय समाजिक संघ संस्थांय भारत देशांत आसती. आनी त्या त्या संस्थयांचे, धर्माचे दार्शनीक, मुखेले तांगेले कार्य, सिद्धांत, आनी विचार संसाराक बोधन करन गेल्याती.

वयर सांगिले महात्म, राजामहाराजा, दार्शनीक आनी धर्मीक, सामाजीक, सांस्कृतीक क्षेत्रांतुले

महा मानेस्तांगेले जीवित, जीवनाचें दर्शन आनी कार्य ल्हान प्रायेचे चर्डुवांक, विद्यार्थी विद्यार्थिनींक सांगल्यारी, वाडुन येवचे मुखावयले पिळगीक एक आदर्श दाखोवन दिलेयावरि या सांगिलवरी जातलें. ह्या खातिर प्रकाशन जावचे कोंकणी भाषीक श्री. कार्कळ अनंत पै (अंकल पै) लें अमर चित्रकथा, चंदमामा महिन्याळें, भारत भारती पुस्तकां, चर्डुवाल्यांत मात्र न्हंय, घरांतुले तांगेले म्हालगड्यांकय खूब आवडलेलें आसा. अमर चित्र कथा तांतूय भारतांत मात्र न्हंय, विदेशांतूय खूब प्रसिद्ध आनी जनमोगाळ जालेलें सर्वांक कळूनची आसा.

कोंकणी भाशेंत बालसाहित्य खूब ऊणे आसा. बरें बाल साहित्य उजवाडाक हाडून कोंकणी बाळाल्यांत पुस्तक वाचूचे आनी साहित्यांत अभिरुची हाडचे अगत्य आसा, म्हळेलें मनांत घेवन कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठानाचे वतीन विश्व कोंकणी केन्द्राचे आनी विश्व कोंकणी साहित्य अकाडेमीचे मुखावयले योजनादावन,

विश्व कोंकणी बाल साहित्य उजवाडाक हाडचे ठरयलां. ह्या पुस्तक मालिकेंत प्रपंचांतुले मुख्य जावन भारत देशाचे मानव श्रेष्ठांगेले जीवित आनी कार्यांचे माहिती दिवचे ल्हान ल्हान पुस्तकां प्रकाशन करन बाळाल्यांत कोंकणी साहित्य जनमोगाळ करचें उद्देश आसा. हाका कोंकणी चर्डुवालें आनी तांगेले वडीलांगेलेय प्रोत्साहन मेळतलें, आनी तान्नी उगते मनान स्वीकार करतले अशें आम्मी आशेताती.

गांधीजीले जीवितांचें विषयांत हें पुस्तक बरोवन दिलेले श्रीमती जयश्री शानभाग हांका देवु बरें कोरो. पुस्तकाचे मुखचित्राची कल्पना आनी डीटिपी विश्व कोंकणी केन्द्रांत जाल्या. पुस्तक छापसून दिलेले कोडवर्ड प्रासेस आनी प्रिंटर्स मंगळूरु आनी विश्व कोंकणी बाल साहित्य पुस्तक माळा प्रकाशन, **गोवा कोंकणी अकादेमीचे** देणिगा. हांका देव बरें कोरो.

विश्व कोंकणी केन्द्र — **बस्ती वामन शेणै**

फे. १४, २०१२ — *अध्यक्ष*

गांधीजी

थोडे वर्सां पयली गजाल. युरोपाचो एक भोंवडेकार भारताक आयिल्लो. ताका कोणेयतरी विचारलें "तुमी भारतांत किदें पळोवपाक आयल्यात?" तांणे उत्तर दिलें "हिमालय, ताजमहल आनी गांधी". "गांधीजी फाकीवंत जाल्ले गिरेस्तकाय किंवा अधिकार बळान न्हंय. उतरा प्रमाणें चलप, कोणाकूय वायटपणा करपाचें सोडा, पाडें येवजितालेंक दुष्ट म्हणून ग्रहीत सुद्दां धरप नासचें, सगल्यांचे सदाकाल बरेपणच अपेक्षा करप, माया-मोग वाडोवप आदी बरे गुणा निमतान ते लोकीकवंत जाले; भारतांत तसले व्यक्तीक 'महात्म' अशें मानान आपोवपाचें हजारानशी वर्सा पासून चलून आयिल्ली पद्धत.

'सत्यवंत आनी धर्मनिष्ठ आवय-बापूय'

गांधी' हें घराण्याचें नांव. ह्या घराण्याचे खूब तेपा पासून व्यापार करताले. ते गुजरात राज्यांतल्या पोरबंदर नांवाचे शारांत वसती करताले. त्या शाराचे भोंवतणी ऊंच फातराच्यो वणत्यो सूर्य प्रकाशाक धवयो जावन थळथळटाशिल्यो. देखून त्या नगराक 'श्वेतपुरी' अशेंय नांव आशिलें.

गांधीजीचो आजो उत्तमचंद गांधी पोरबंदरचे राणाक दिवान म्हळयार मुखेलमंत्री जावन आशिलो. ताचो पूत करमचंद गांधी. गांधीजीचो बापूय. गांधीजीचें पूर्ण नांव मोहनदास करमचंद गांधी. तांचो जल्म 1869 साला अक्टोबर दोन तारखेर जालो.

करमचंद गांधी थोडे काळ पोरबंदर संस्थानांत, ताचे उपरांत राजकोट नांवाच्या संस्थानांत दिवान जावन आशिले. ते आपले बापायचे भशेन प्रमाणिक आनी

धैर्यवान जावन आशिले. पुतळीबाई तांची घरकान्न. तिच्या भुरग्यांत मोहनदास करमचंद गांधीच सगळयांत निमणो.

करमचंद गांधींक वेव्हार गिन्यान बरें आशिलें. "म्हजो बापूय कुळाचो अभिमानी, सत्यवंत, धीरेस्त आनी व्हड काळजाचो" अशें गांधीजीन आपले आत्मचरित्रेंत बरयलां. ताचे घरांत बरे नेम-निष्ठेन रामायण, महाभारत, हाचें वाचन चलतालें. जैन, फारसी, आनी मुसल्मान पंडितां वांगडा संवाद चलताले. हें सगळें धाकटो गांधी लक्षदीवन आयकता आसलो. पुतळीबाई सदां चुकि-नास्ताना देवळानी वताली. वतना पूत मोहनदासाकूय आपोवन व्हरताली. ती खडक व्रत-उपास आदी करताली. धर्माचें पालन जणूं कांय तिचो श्वासोच्छवासच जावन आशिलो. बाळक मोहनदास तिचेन खूबच प्रभावित जालो. गांधीजीन कितले तेपा उपरांत याद करीत "म्हजे भितर शुद्ध भाव कांयतरी दिसल्यार ये सगले म्हजे

आई कडचान आयिल्लेच" अशें म्हळां. तिचो सेवाभाव, त्यागबुद्द आनी मोगाळ वागणूक पुताकूय आयली.

'विद्यार्थी गांधी'

गांधीजीचे पिरायेचे सातवे वर्सामेरेन मुळावें शिक्षण पोरबंदराचे प्राथमिक शाळेंनी जाले. ताचे उपरांत राजकोटांत शाळेगेले. ल्हानपणां पासून गांधी खूब लजेस्त भुरगो; पुणून तितलोच आज्ञापालकूय जावन आशिलो.

एक फावटी शाळेंत इन्सपेक्टर परीक्षेक आयिल्लो. मास्तरान कांय इंग्लीश शब्दांचे शुद्ध लेखन दिलें. गांधीन 'केटल' हो शब्द चूक बरयलो. हें पळयल्ले मास्तरान शेजारी बशिले भुरग्याचें लिखाण पळोवन सारके करपाची सूचना दिली. गांधीन तशें कांय करूंना. इतले न्हय 'नकल करपानजो' अशें शिकयल्ले मास्तरानच

कुरू करून सांगिल्लें बरें दिसूंना. पुणून त्या मास्तरा बदलचो आदर कांय उणो जावूं ना.

तेच काळार गांधीन 'श्रवणाची पितृभक्ती' आनी 'हरिश्चंद्र' हीं दोन नाटकां पळयलीं. ताचेन गांधीले मनाचेर खूब प्रभाव पडलो. श्रवण बाळान आपलें जाणटे आवय बापायाक केल्ली सेवा अतिशय तुस्त करपाची; तशेंच हरिश्चंद्रान सत्याक लागून पाविल्लीं कष्ट तर हिसबा भायलें. आपणेंय तांचे भशेन जावपाक जाय अशें तांणे चिंतलें.

तरणे आनी सरळ मनाचे धाकटे भुरग्यांक अनुकरण करप आनी सहवासाचो प्रभाव खूबच पडटा. तेरा वर्स पिरायेर गांधी माध्यमिक शाळेंत शिकतांना थोडे वायट प्रभावाक बळी पडलो. पुणून बेगों बेग ती चूक जाणवून बरे मार्गाक लागलो, तें विशेष.

गांधीले इश्कोलांत शेक मेहताब नांवाचो बळिश्ट भुरगो आशिलो. तो एका नंबराचो खेळगडी. इंग्लिष लोकांक आमचे देशांतल्यान भायर काडप जाल्यार ह्या शेकाभशेनच मासखावन घटमूट जावपाजाय, ही चूक समजूत गांधीक जाली. आनी गांधीन चोरलिप्येन मास खावपा सुरु केलें. पुणून ते ताका पचलें ना. तशेंच सिगरेट ओडलें. व्हडले भावाचें रीण फारीक करपा खातीर घरांतलें इल्लें भांगर चोरलें. आपले मनाक दिसता तशें वागपाक वाव ना अशें दुक्कां भरून येतकीर, धुतऱ्याच्यो बियो खावन आत्महत्या करपाक यत्न केलें. पुणून धैर्य जावूं ना. आखेरीक खूब पश्चात्तापान बापायक सगले विशय एक चिटयेंत बरोवन चूक मागली. ती चीट बापायचे हातांत दितना हात थरथरतासले. बापायन ती चीट शांतपणान वाचली. आनी किदेंय उलयनासताना दोळेंतल्यान दुकां गळयलीं. तें पळोवन गांधीजीलें काळीज विरगळ्ळें. "बापायले दुःखाश्रून म्हजें पाप धूवनगेलें;

म्हजें काळीज शुद्‌ध जालें" अशें आपले आत्मचरित्रेंत बरयलां.

प्राथमिक शाळेंत जावू किंवा माध्यमिक शाळेंत जावूं गांधीजी एक सर्वसाधारण भुरगो जावन आशिले. ताच्यांत विशेष अशें कांयच अंश दिसू नासलो. हेर विद्यार्थी वांगडाय जमनाशिले. आपल्याक कोणतरी मस्करी बी करताले काय अशें भियेताले.

"धर्माचें दिव्यमंत्र"

तेरा वर्स पिरायेचेरच गांधीलें लग्न घडलें. व्हंकल कस्तूरबाकूय तितलीच पिराय. तो एक बाल्य विवाह जावन आशिलो. त्या काळांत तसलो विवाह चालींत आशिलो. लग्न म्हळयार किदें, घोव–बायल हाचो अर्थ किदें, हें कांय समजप असलें वय न्हय तें. तरीय लग्न जालेंच. लग्नाक लागून शाळेंतलो एक वर्साचो व्यासंग चुकलो. माध्यमिक शाळेचो विद्याभ्यास काबार जावू

पर्यंत, गांधीक एक भुरगें जावन तें मरणपावन आनी एक जल्मा आयिल्लें. 15–16 वर्स पिरायेचो भुरगो आतां बापूय जाल्लो! तो मेरेन गांधीजींचो बापूय भायर पडिल्लो.

ल्हानपणांत शिकिल्ली एक गुजराती कविता गांधीजीच्या मनांत छाप मारिल भशेन बशिल्ली. कवीचें नांव श्यामलाल भट्ट. त्या कवितेचो सारांश अशें आसा–

"एक पेलोभर उदक दिल्याक जेवण वाड.
बरें उतर उल्लयल्याक मानवाकून नमस्कार कर
एक दमडी दिल्याक तूं भांगराचो शिक्को दी.
तुझो प्राण वांचयल्याक तुजो जीव दी.
उपकारीक ताचे धा वांटयान परतून उपकार कर
गिन्यानी सगळयांक एक सारकेच पळयतात
अपकार जरी केलो तरी खोशयेन उपकारूच करतात."

हीं उतरां तर गांधीजीले जीविताचे आदर्श जालीं. सूडाक परत सूड घेवप हो खरो धर्म न्हय हें समजलें. धर्माचो दिव्यमंत्र जाणा जाले.

"इंग्लेंडांत"

माध्यमिक शाळेंतल्या व्यासंगा उपरांत गांधीन भावनगर नांवाचे शारांतले कॅालेजानी आपले शिक्षण फुडे व्हेलें.

तेन्ना एक दिवस तांचे घरा एक स्वामीजी आयले. तांणी गांधीक पळोवन "ह्या चल्याक तुमी शिकवणी खातीर इंग्लेंड कित्या धाडीनात? ताचेन तुमचे घराण्याक बरे नांव येतलें" अशें म्हळें. गांधीकूय ही सूचना खूब पसंत पडली. वैदकीयशास्त्र शिकप अशें गांधीजीची इत्सा, पुण ताचे वडील भावाक तें खुशी ना.

त्या दिसानी समुद्र प्रयाण करून परदेशाक वचपाचेर प्रतीबंध आसलो. तशें वचप हें धर्माचे विरुद्ध

असो अभिप्राय आसलो. मोहनदासाच्या आवयकूय ही सूचना आवडली नासली. खंय आपलो चलो सोरो बी पीवन, मास खावन बाटतालो म्हणपी भिरांत तिका. शेवटाक आपण खंयचोय अनीती पतकरना म्हण आवयक वचन दीवन तिची कबूली घेतली. घरांत पयशांची बी मात अडचण आसली. ती अडचण गांधीजींच्या व्हडले भावान आपण सांबाळून घेतां, अशें म्हळें. गांधीजीन इंग्लेंडाक वचून न्यायशास्त्र शिकून ब्यारीस्टर जावचें अशें थारायलें.

तेदवेळा गांधीजीक अजून एकुणीस वर्सांची पिराय. 1888 साला सप्टेंबर चार तारखेर गांधीजी इंग्लेंडाक भायर सरप हें निश्चित जालें. हो वृत्तांत कुळाचे म्हाल-गडयांक कळ्ळो आनी तांणी गांधीजीचेर निषेध घालो. गांधीजी ह्या निषेधाचें उल्लंघन करुन इंग्लेंडाक गेले. ताचे फाटोफाट ताका जातींतल्यान भायर काडला अशें त्या म्हालगडयांनी जाहीर केलें.

लंडनांत कशें जीवन करप, इंग्लीश लोकांची चाल–चलवणूक इत्यादी कांय जाणकारांकडेन विचारपूस करून समजून घेतलें. इंग्लेंडा तसले थंडीचे देशांनी सोरो न पितां, मास न खातां वांचपच त्रासाचें अशें कांय मित्रांनी सांगलें. तरी आपले आवयक दिल्लें उतर राखून घेवपाक गांधीजीन खरीच थिटाय दाखयली. शिवराक जेवण मेळपी हॉटेल सोडून थंय जेवपा लागले. सदां तितलें पयस चलून वचपाचे त्रास दिसले, तेन्ना आपणच रांदपाक सुरुवात केली.

सुरवातीक गांधीजीन इंग्लिश लोकांली जीवन पद्धत अनुकरण करपाक सुरुवात केली – नाच शिकपाचो, फ्रेंच भास शिकपाची, भाशण करपी कला शिकप इत्यादींत मग्न जाले. हाजेन खर्चूय खूब जातलासलो. पुण खंयचेय सारकें शिकपाक साध्य जाले ना. आपल्या शिक्षणा खातीर गांवांत व्हडलो भाव कितले त्रास काडून पयशे

पुंजावन धाडटा हाची याद आयली. तर आपण अशें फोलगी मारप बरें न्हय ही जाणीव जाली, आनी आपलो अवाढव्य खर्च थांबोवन एकदं सरळ जीवन करपाक सुरुवात केली. शिकप आनी फक्त शिकप हेंच एक तांचो ध्येय राबलो.

थंय आसताना एका इंग्लिश घराब्या बरोबर खूब सलगी दवरून घेतिली. तांचे बरोबर वागताना खंयच आपण विवाहीत हाची दाद दिवूनासली. त्या घरांत दोन तरणाटयो चलियो आसल्यो आनी गांधीजी हांचे वांगडा बरे आनंदान आनी मेकळेपणान वागताले. खंय एक दीस ही सलगी हद्दींतल्यान भायर वता अशें भास जालो. रोखडेंच तांका आपणे आवयक दिलें उतर उगडास आयलें आनी ते ताबडतोप सादूर जाले. त्या इंग्लिश कुटुंबेच्या यजमानीक आपल्याक लग्न जावन एक भुरगोय आसा, माफ करा अशें एक चीट बरयली.

गांधीजी इंग्लेंडांत दोन वर्ष आठ म्हयने रावले. तांणी न्यायशास्त्रांत ब्यारीस्टर डिग्री प्राप्त केली. आपलो व्यासंग सोंपतकच एक दिवस सुद्दां चड रावनास्ताना 1891 सालां जून 12 तारखेर भारताक परतून आयले.

इंग्लेंडांत राविल्ले अवधींत शिवराक जेवणाक लागून गांधीजीनं कित्ल्येक प्रयोग केले. मांसाहार मनशांक कित्याकय युक्त न्हय हें तांका जाणवलें. दादाभाई नवरोजी, डॉ. एनीबेसेंट, आनी हेर प्रभावी व्यक्त्यांची वळख जाली. इतल्यो सगल्यो गजाल्यो घडल्यो तरी हे एकादी एक प्रसिद्द मनीस जातले अशें दिसूंकच ना. भगवद्गीता गांधीजीन पयले फावट वाचीली कशें जाणात? दोग इंग्लिश थियोसोफिस्ट दोस्तां बरोबर भगवद्गीतेचें इंग्लिश भाशांतर वाचिल्लें. सर् एड्विन् ऑर्नाल्ड हांणी बरयिल्लें 'दि सॉग् सेलिस्टीयल् नांवाचें ग्रंथ तें. तें वाचले उपरांत गांधीजीक हिंदू धार्मीक ग्रंथ वाचपाची

ओड लागली. मागीर ती ओड वाडत गेली. आनी भगवद्गीतेचें शिकवण, भगवद्गीतेचो धर्म हें सगले तांचे जीवनाक धिटाय दिवपाक शक्त जालें.

मुकार कितें'

गांधीजी भारताक परतून पावले तेन्ना एक दुःखाची घटना घडिल्ली. तांची आवय ह्या जगाक अंतरिल्ली. ही खबर व्हडले भावान गांधीजीक सांगूकच नासली. आतां हो समाचार आयकून गांधीजीचें दुख्ख सोसपाक नजो अशें जालें. तांणी परतून येतकच तिका दिल्लें उतर आपणें कशें पूर्णत्वाक पावयलें तें सविस्तर सांगका म्हण विचार केल्लो. तें आयकून तिका कितलो आनंद जातलासलो कोण जाणा? आतां तें भाग्य ना जालें.

गांधीजी निकतेंच बावीस वर्ष पिरायेचे तरणाटे. तांचो चलो हरीलालाक चार वर्षाची पिराय. गांधीजीन

भारी खोशयेन मुंबयंत वकीली सुरुकेल्ली. पुण किदें? न्यायालयांत उबोरावन वादविवाद करपाक जमलेंच ना! देखून पयलो मुकादमोच चल्लोना. धंध्यांत निरशेवणी आयली. वेगळे खंयचेय सारकें काम बी मेळूना. मुंबय सोडून राजकोटाक परत आयले. गांधीजीक आनी तांचे भावाक दोगांकूय खूब निराशाजाली.

अशें आसताना गांधीजीचो व्हडलो भाव लक्ष्मीदास गांधी हांका पोरबंदर संस्थानाचे दिवान जावपाची संध जमिल्ली. पुणून एक ब्रिटीश राजकीय प्रतिनिधी तांचेर मातसो नाखुश आसलो. गांधीजीन लंडनांत आसतांना ह्या प्रतिनिधीची वळख जाल्ली. देखून ही दिवानगिरी आपण्याकच मेळचे तशीं त्या प्रतिनिधीक्डेन गांधीजीन उलोवचें अशें लक्ष्मीदास गांधी हांचे मत आसलें. पुणून गांधीजीक ही सुचवणी आवडलीना. तरीय भावा खातीर गांधीजी त्या प्रतिनिधी कडेन गेले आनी त्या प्रतिनिधीक

आपले भावा बद्दल सांगपाक सुरवात केली. अशीं वशीलीबाजी करप सारके न्हय, ही चूक आसा, अशें त्या प्रतिनिधीन गांधीजीक कितलेंय तरी सांगलें. तरी सुद्दां गांधीजी वाद करीत रावले. तेन्ना राग आयिल्ले त्या प्रतिनिधीन गांधीक भायर धुकलून उडय अशीं आज्ञा दिली. गांधीजीक खूब अपमानसो जालो. पुण करता किदें? आपलें दुख्ख आपणच गिळून ओगीं रावले. ह्या घटने निमतान मात्र तांचे जीविताची दिशाच बदलली.

"दक्षिण आफ्रिकेचो उलो"

दक्षिण आफ्रिकेंत वेपार करपी गुजरातचे कांय मुसल्मान आसले. तांतूंतलो एकटो अब्दुल्ला सेट हाचो नातेवाईक; आनी हो अब्दुल्ला सेट गांधीजीले व्हडले भावाचो वळखिचो. आपले सोयऱ्याचो मुकादमो चलोवपाक थंयच्या इंग्लिश वकीलाक मदत करपाक ब्यारीस्टर गांधी दक्षिण आफ्रिकाक वचपा शक्त की

किदें अशें तांणे गांधीजीक विचारलें. हें काम एक वर्स भर चलतालें; एकंदर खर्च सगलो त्या व्यापारीचो. वयल्यान आनी 100 पौंड मानधन. वकीली चलोवपांत येसस्वी जायनासले, आनी इंग्लिश प्रतिनिधी वरवी अपमानीत जाल्ले गांधीजीक ही एक बरी संध अशें दिसतली. भावाची परवानगी घेवन 1893 साला एप्रिल म्हयन्यांत गांधीजीन दक्षिण आफ्रिकेक प्रयाण काडलें. तेन्ना तांका फक्त चौवीस वर्ष पिराय.

"आत्मगौरव"

गांधीजी नाताळाचे बंदर दर्बान शारांत पावन दोन तीन दीस जाल्ले. कोर्टांत वतना गांधीजीन तकलीक मुंडास बांदिल्लो. हें न्यायाधीशाले लक्षांत गेलें. पगडी बांदपी मुसल्मानांक सोडून हेर कोणेय भारतीयान पगडी बांदलेली आसल्यार ती काडून न्यायास्थानाक गौरव दाखोवका आशिल्लें. पुण गांधीजीन ती सुचवणी तिरस्कार

करून कोर्टांतल्यान भायर आयलो. दक्षिण आफ्रिकेंत गांधीजीक जाल्ले अपमानाचें पयलें पावुल.

दर्बानाक आयिल्ले एका आटव ानंतर एक दीस ते ट्रेनींत खयतरी प्रवासाक भायर सरिल्ले. तांणी फर्स्टक्लासाचें तिकीट बी काडिल्लें. ट्रेन 'मरिट्स बर्ग' शारांत पावलें. रातचो वेळ; भायर तर सामकें थंड. रेल्वेचो एक अधिकारी येवन एका गोर्याक ती सुवात सोडून दी आनी तूं ब्रेकव्यानांत वचून बस अशें गांधीजीक म्हणपा लागलो. "म्हजें पयले दर्जेचें तिकीट आसा" आशें म्हणत गांधीजी उतरपाक कबूल जावूंना. इतल्यांत रेलवेचे अधिकारीन पोलीसांची मदतीन गांधीजींची ताट-पोटली काडून भायर मारली आनी गांधीजीकय बळजबरीन सकयल देंवयलो. ट्रेन फुडे सरलें. त्या रेलवे-स्टेशनार दिव्याचो इल्लोसो उजवाडय नासलो. थंडींत कुडकुडत बसून गांधीजीन आपले अपमाना-बदल चिंतलें. भारतांत

अपमान जालो म्हळयार हांगसरय तशेंच! खूब दुख्ख जालें गांधीजीक. दुसरो दीस उजवाडले उपरांत तांणी आपलें प्रयाण परतून सुरु केलें. ट्रेनींतल्यान देंवले उपरांत थोडे पयस ताका घो ।गाडींत वचपाचें आसलें. तेद वेळारय तशेंच. घोडयागाडींत फक्त युरोपीय लोकानीं मात्र बसप खंय! गांधीजीन गाडीवाना भरशीं बसका पडलें. थोडे वेळान तांका 'फूटबोर्डा'र बस अशें आज्ञा जाली. गांधीजीन ती सुचवणी न्हयकारली. ते देखून त्या गाडीचो युरोपियन पर्यवेक्षक गांधीजीचे आंगार पडून मारपाक लागलो. गांधीजीन ते मार सहन केले. परंतु सीट सोडून उठूना. हें पळयले हेर प्रवाश्यांनी मदीं प्रवेश करून गांधीजीक सुटयलो.

दक्षिण आफ्रिकेंत वसती करपी एकंदर भारतीयांक हो सदचो अपमान हें कळटकच गांधीजीची विचारधारा बदलली. आनी एक नवोच गांधी घडून आयलो.

भारतीय लोक 1860 साला पासूनच दक्षिण आफ्रिकेंत राबीतो करून आशिले. तांतूंतले चडशे ब्रिटिशांचे ऊसाचें शेत, चा आनी काफीचे कुळागरांत काम करपी हमाल.

गोरे यूरोपियन्नांचे दिश्टींत सगले भारतीय कूलीच, वेपारी, 'कूली वेपारी', ब्यारिस्टर गांधी 'कूली ब्यारिस्टर' आदी. सगले भारतीयांक 'गिरिमिटिया' 'सामी' अशें संबोधना करताले. 'गिरमिटिया' हें 'पर्मीट' आनी 'सामी' हें 'स्वामी' ह्या शब्दाचें विकार रूप. नाताळांत कोणूय भारतीयांनी रातचे णव वरा उपरांत घरा भायर सरपाक बंदी आसली. ऑरेंजफ्रीस्टेटांत भारतीयांनी भाटबेंस घेवन व्यापार वेवसाय आदी कितेंय करप नासलें. ट्रांसवालांत भारतीयांनी जमीन घेवपाची नासली. इतलेंच न्हय, तीन पौंड राबीतो कर दिवपा जाय आसलो. सगले भारतीयांनी शारांतले घाणयारे प्रदेशांतच वास्तव्य करपा

जाय आशिलें. एक फावट गांधीजी रातचे णव वरा उपरांत पांयभोंवडीक भायर सरीले अपराधा खातीर खोंट खावची पडली. वट्ट भारतीय 'मनीस' अशें कोणेय कोंताक धरपच नासलें. दक्षिण आफ्रिकेचे भारतीयांची समस्या अदमास एक लाख लोकांचे जीवन्मरणाचो प्रश्न जावन आसलो. सगले लोक मोन्यान आपलो अपमान सहन करीत आशिल्ले.

'ब्यारिस्टर गांधी आत्मगौरवाचे झुजाचो फुडारी'

अब्दुल्ला सेटाचो मुकादमो गांधीन राजी करयलो. तांणी दक्षिण आफ्रिकेंत आयिल्लें काम सोंपिल्लें. आतां थंयचान भायरसरपाचो–निरोप घेवपाचो सुवळो बी आयोजित केल्लो. सभेंत जमिल्ले सगळयानी त्या दिसा पत्रिकेंत उजवाडिल्या 'भारतीय नागरिकांचे मताधिकार' ह्या खबरे विशीं भासाभास केली. भारतीयांचे बरेपणा खातीर गांधीन आनी थोडे दीस दक्षिण आफ्रिकेंत उरचें

अशें विनंती केली, आनी गांधीजी कबूल जाले. परबीं दिवपाचो जाहीर सुवाळो नागरीक हक्कांची संघर्ष क्रिया समीती जावन रूपांतर जालो. अशें गांधीजीक दक्षिण आफ्रिकेंत रावपाक मुळावण घाल्ले भशेन जालें. भारतीय भावंडाले आत्मगौरवा खातीर झूजपाचें बीं घालें गेलें.

गांधीजीन 'नाताळ इंण्डीयन कॉंग्रैस' नांवाची संस्था उबारली. ह्या संस्थे वरवी भारतीयांचो संघर्ष फुडे व्हेलो. "इण्डीयन् ओपिनियन्' नांवाचें नेमाळें सुरुकरून ह्या धडप ाची वळख करून दिली; आनी ताचे वरवी निवासी भारतीयां मदीं एकवट आनी स्वाभिमान जाग्रत जावचे तशीं पळयलें. ह्या मदीं गांधीजी एक फावट भारताकूय येवन राष्टीय कांग्रेस अधिवेशनांत वांटो घेवन दक्षिण आफ्रिकेचे भारतीयांक नासलेले कितले तरी अधिकार आनी तांची संकष्टां ह्या विशीं सहानुभूतीपूर्ण थाराव घेवचे तशें केलें.

भारतांत गांधीजीन आयिल तेन्ना तांणी केल्लीं उलोवपा विशीं नेमाळयांत चूक बातमी छापली गेली. तें वाचून दक्षिण आफ्रिकेंतले यूरोपियन गोरे लोकांक तिडक मारली. गांधीजी एकफावट दक्षिण आफ्रिकेक एवोंदी अशें रावताले. गांधीजीन जहाजांतल्यान उतरतकच तांचे जीवाक अपाय येवपी सारकी गजाल घडली. लोकांची झुंडी 'गांधीक फाशी दिया, फाशी दिया' अशें बोब मारत, हुयेल घालत, वीटेचे कुडके, फातर, कुसके अंडे आदीं मारपा लगले. इतल्यांत एक पोलीस अधिकारीची घरकान्न – अशें तिवूय यूरोपियन्च – तींणे धिटायेन मदीं प्रवेश करून गांधीजीक सुरक्षित जाग्यार आपोवन व्हेलें.

निवासी भारतीयांक एकठांय करून गांधीजीन संघर्ष चालू दवरिल्लो. त्याच वेळार दक्षिण आफ्रिकेचे मूळ निवासी 'झूलू' लोकांनी ब्रिटीश सरकाराचे विरुद्ध दंगो केल्लो. तेन्ना गांधीजीन आपल्या संघर्षाक मातसो

विसव दिलो. आनी युद्धांत जखमीं सैमिकांक रेडक्रॉस सेवा एकका वरवी अमोघ सेवा केली. तें पळोवन सरकारान गांधीजीक 'कैसर्–इ–हिंद्' किताब दीवन सन्मान केलो.

सत्याग्रह अवतरलें

1907 सालांत दक्षिण आफ्रिकेच्यें जनता सरकार एशियाचे जनांगा बद्‌दल निष्ठुरतायेन विरोध करत आसलें. 'सरकारान एशियाटीक रूल' नांवांचे एक शासन केलें. ह्या नेमा प्रकार आठ वर्ष पिराय जाल्या – जावों दादलो किंवा बायल – सगल्यानी नोंद करवप. इतलें न्हय किरिस्तांव विवाह पद्धतीक मात्र मान्यताय दिवप अशेंय थारायलें. हाचो अर्थ अशें जालो की आपआपल्या धर्माप्रकार लग्न जाल्ले हिंदू आनी मुसल्मान लोक कायदेशीर घोव बायल न्हय म्हण जालें. इतलेंच न्हय भारतीयांक एक प्रांतांतल्यान आनीएक प्रांताक वचपाकूय

प्रतिबंध आसलो. गांधीजीन असले नोंदणीक हयकार दिवप ना आनी ह्या आज्ञेचें उल्लंघन करपाक जाय अशें भारतीयांक सुचयलें. त्या खातीर एक खडक संघर्ष बरे नेटान सुरुजालो. गांधीजीन हाका 'सत्याग्रह' अशें नांव दिलें, दुश्ट बेबंदशाय आनी जुलमी शासना विरुद्‌ध 'आत्मशक्त' अथवा 'प्रेमशक्त' हाचो प्रयोग अशें म्हळें. अशें तरेन दक्षिण आफ्रिकेच्यीं बायलां, दादले आनी 'भुरग्यांकूय लडायीक तयार केलें. हाका तांणी 'शांतीसैन्य' अशें आपयलें. हें सैन्य नाताळांतल्यान ट्रान्सवालाक प्रवेश करपाचें आसलें. शासनाची उल्लंघन करपाक तांणी येवजिल्ली येवजण ही. हें अदमास स म्हयने पर्यंत चललें. गांधीजी आनी हेर सत्याग्रहींक बंदखणीची ख्यास्त जाली. आखेरीक गांधीजी आनी दक्षिण आफ्रिकेचे सरकारा मजगतीं बरे भशेन करारनामो जालो, आनी दक्षिण आफ्रिकेचे सरकारान भारतीय नागरीकांचे हक्क

मान्य केले. अशें गांधीजीन भारतीयांचे आत्म गौरवाक राखण दिल्ली.

दक्षिण आफ्रिकेचें ह्या सत्याग्रहाचे झूजान संवसाराचे राजकीय इतिहासांत एक नवें तंत्र निर्मित केलें. चडकरून राजकीय म्हळयार फसवणूक, खूनी, हिंसा, फटमारप हेंच मत आसता, कशेंबशें उद्देश साधप हीच म्हत्वाची नीत. पुणून गांधीजीक तशें न्हय – उद्देश जितलो उदात्तकी, तो साधपाचो उपाय सुद्दां तितलोच उच्च आसपाक जाय, अशें म्हणां ते. हें साध्य करपाक प्रेम आनी अहिंसा होच एक उपाय. हें देख सयत तांणी दाखोवन दिलें.

“महात्मागांधी”

दक्षिण आफ्रिकेन अशे तरेन गांधीजीक संवसार भर फामाद केलो. सत्याग्रहा रूपाचो अहिंसात्मक संघर्ष

चलयल्ले गांधीजीक नामनेचे अनेक पश्चिमी लोकांनी येसुक्रिस्तालो अवतारूच अशें चिंतले. दक्षिण आफ्रिकेन बावीस वर्सं रावन भारताक परतल्ले गांधीजीक प्रेम आनी आदर सयत येवकार दिलो, आनी 'महात्मा' अशें उपाधी दिवान गौरव दाखयलें.

"सर्वोदय"

भारताक आयिल्ले उपरांत गांधीजीन अहमदाबादा लागीं 'सत्याग्रह आश्रम' बांदलें. ह्या आश्रमांत जीणेची पद्धतीक 'सर्वोदय' अशें नांव दिलें. दक्षिण आफ्रिकेंत तांणी आपणांयली जीवन शैलीच ती. थंय गांधीजीन 'फीनिक्स आश्रम' आनी 'टॉलस्टाय आश्रम' अशें दोन संस्था बांदिल्यो. सादी राहणी – उच्च विचार सरणी' हेंच त्या आश्रमांचो ध्येय जावन आशिलो. जीविताचे ह्या शैलीनच मनीसकुळाचें बरेपण जाता अशें गांधीजीचो विश्वास. 'सूडाक प्रति सूड' 'अपकांराक प्रति अपकार'

किंवा प्रतिकार हो खरो धर्म न्हय. मनीस सत्यनिष्ठ आनी धार्मीक चाल-चलावणेचो तशेंच प्रेमान भरपूर जावन जीवित चलोवका हेंच सत्य, धर्म, आनी प्रेम – हे गुण भौसांतूय, रुजोवपा जाय हो तांचो उद्‌देश जावन आसलो. ह्या गुणा निमतान आमच्यांत आशिले वायट विचार आदी निवारण करून सात्विक शक्त वाडयता – अशें तांचो विश्वास आसलो.

'भारताचो फुडारी गांधीजी'

ब्रिटिश साम्राज्याचे आधिपत्यांतल्यान सुटकारो पावपा खातीर भारतीयांचो प्रयत्न चालू आसलो. भारत राष्टीय कॅांग्रेस ताचे खातीर वावर करीत आसलें. 1919 सालान पंजाबाचे जलियन्‌वाला बाग म्हळे कडेन ब्रिटिश सैनिकांनी केल्ले अत्याचारान भारतीयांचे रक्त खवदळींलें. थंयसर भौस एक सभेखातीर जमील्ले. चौफेर ऊंच वणटयो भायर सरपाक एकच वाट. ती वाट अडोवन

ब्रिटिशानी फारपेट करून निरपराधी भारतीयांचे वध केल्लें.

त्या काळावधींत देशाचे फुडारी जावन आशिले लोकमान्य बाल गंगाधर तिलक मरण पाविल्ले. पुराय राष्ट्र एक कर्तबगार फुडाऱ्याक वाट रावताले. दक्षिण आफ्रिकेचे वीर, सत्याग्रही 'महात्मा' हांचे वाटेन सगल्यांची नदर गेली. आनी तें फुडारपण सहजासहजीं गांधीजीक लाभलें. ताचे उतरांत एक जादूसो आसलो. तांची वागणूक स्फटिका भशेन शुद्ध. गांधीजीन राष्ट्रांत नवी उरबा भरली. एक दुबळो मनीस सुद्दां तांचे फुडारपणा खाल अहिंसेचे झूजाक तयार जाताशिलो. बायलां, भुरगीं, शेतकरी सगले आपले जीवाची परवा सोडून आपलें आत्मबल राखोवपाक तयार जाले. त्याग आनी सेवा हेंच राष्ट्रधर्म जालो.

भारत राष्ट्रीय कॉंग्रेसान गांधीजीचे फुडारपणा खाल तीन दशक मेरेन पांच मुख्य संघर्ष केल्ले. 1920 ते 1922 साला मेरेन असहकार आंदोलन चलले. शाळा–कॉलेजांक बहिष्कार, कोर्टांत बहिष्कार. तशेंच शासन सभेंक बहिष्कार घालो. राजद्रोहाचो दोशारोप करून गांधीजीक स वर्साची बंदखणीची ख्यास्त जाली. हाका लागून कोर्टांत चलीली विचारपूसेन सबंद संवसाराचें लक्षय ओडून घेतले.

1922 सालांत मुंबयंत हिंदू–मुसल्मान संघर्ष जालो. पिसावलेले द्वेशान रगताचो व्हाळ व्होंवलो. गांधीजीलें काळीज दुगदुगलें. आपलो पूत देवदास गांधीक आपोवन "चल बाळ, हिंदू–मुसल्मान लडाय करत आसात, थंय वच. हो दुस्वास नाका म्हणून बुद्द सांग. तांणी तुका जितो मारलो तरी हरकतना. इतले व्हडले कामाक लागून म्हजो पूत बळी जाल्लो तरी म्हाका आनंदूच" अशें सांगून धाडून दिलो.

1931 सालां मिठाचें शासन मोडपा खातीर चलीलें. दांडी सत्याग्रह' जगभर नांव पावलें. मिठाची तयारी फक्त ब्रिटिश सरकाराचे आधीन आसली. तो कायदो मोडून आमी स्वतंत्र हें साबीत करपाचो निर्धार केलो. साबरमती आश्रमांतल्यान मार्च 12 तारखेर सकाळीं आपले 79 शिश्यां वांगडा 241 मैल पयस आशिल्या दर्यादिगेचे दांडीक यात्रा भायर सरली. दीसपट्टे 10–12 मैल चलप. हातांत दांडो धरून स्वतंत्रतायेचो सोदलावपाचे दृढ निर्धारान भायर सरिल्ले 62 वर्ष पिरायेचे तरणाटयान ब्रिटिश साम्राज्याची बुन्यादच हालोवन उडयली. गांधीजीन भारताचे कोटी कोटी भौसाचे काळजांत भरिल्लें धैर्य–स्थैर्य आनी आत्म त्यागाचो निर्धार –हें सगलें अजापाचें जावन आसलें. भारतांत हजारानशी शारां, गांव आनीं खे ानी एक ना एक प्रकाराचो शासनभंग चलत रावलो. देशांत सात्वीक आनी वीर तेज पसरलो. आत्मत्यागाक ओतो आयलो. ब्रिटिश सरकारान गांधीजीक परतून

बंदीखान्यांत घालो. 1932 सालांत गांधीजीन बंदखणींत आसतानच एक असाधारण गजाल घडली. ब्रिटिश सरकार राजकीय सुधारणेच्या नांवार 'अस्पृश्य' म्हणपी भारताची कोट्यानशी प्रजेक हिंदू समाजान कायंची ताटातूट करपाचें कुभांड रचलें. 'फूट पाडून राज्य करप' हेंच तांचे तत्व जावन आसलें. 1924 सालांत हिंदू–मुसल्मानांचे एकवटी खातीर गांधीजीन 21 दिसाचो उपास केलो. "अस्पृश्यता ही हिंदू समाजाक लागीलो मोटो कलंक. तो आमी ना नपश्यत् करून हिंदू धर्माची शुद्धी करपा जाय" अशें ते बोध करतालें. अशें आसताना सरकारान स्पृश्या–स्पृश्यतायेचो मुद्दो उठयल्लो तांका खूब वायट दिसलें. देखून तांणी उपास सुरु केलो. ताचेन भारतभर कळवळो भरलो. ब्रिटिश सरकारय घाबरलें, आनी तशें आपणें रचिल्लें कारस्थान सोडून दिलें. देशांत भौसाची मानवीय प्रज्ञा जागीं जाली. देवळां, बांयो आनी सार्वजनीक थळांचेर

'अस्पृश्यांक' 'हरिजन' म्हळ्यार देवाक आवडतो अशें संबोधन केलें. तांचे उपकारा खातीर 'हरिजन बंधु' 'हरिजन सेवक' 'हरिजन' इत्यादी नेमाळीं उजवाडायलीं. देशांतली 'अस्पृश्य' ताय सामकी नाश जावू मेरेन अपण साबरमती आश्रमांत पाय दवरना अशें शपय घेतले. वर्धालागीं 'सेवाग्राम' नांवाचे आश्रम स्थापीत केलें.

सन् 1941 सालां युद्धाक विरोध म्हण वैयक्तिक सत्याग्रह चललें. हाचे आदी चलीलीं सत्याग्रहां समुहीक स्वरुपाचीं. पुणून हें सत्याग्रह, गांधीजीन कबूली दिल्ले वेचीक व्यक्त्यांनी मात्र हो सत्याग्रह करप. हाका 'सांकेतिक सत्याग्रह' अशेंय म्हणतात. फाटलीं थोडीं सत्याग्रहां पूर्णपणान अहिंसेन चल्लींनात. गांधीजीकूय हाची जाणीव आशिल्ली. गांधीजी सत्याचे उपासक. देखून तांणी हो प्रयोग केलो.

अखेरीक सन् 1942 सालां 'ब्रिटीशांनो भारत सोडून वचात' हो संघर्ष शुरु केल्लो. ब्रिटिशांची सत्ता सोंपोवन भारताक मेकळें करपाचो हो अखेरीचो दाव आशिलो. ह्या संघर्षाचें ध्येय-वाक्य आसलें 'करा या मरा!' हें सुद्दां पूर्णपणें अहिंसेचें आसपाजाय अशें तांणी चिंतिल्लें. पुणून तशें घडूंना. तरीय राष्ट्राची अंतःशक्ती असामान्य रीतीन जागृत जाली, आनी स्वंतत्रताय मेळोवपाक कारण जालें. हजारानशीं लोकांनी बंदखणीची ख्यास्त भोगली, लाठीचे मार सहन केल्ले, फारपेटांत जीव व्हगडायले. प्रतिस्पर्धीचेर हात उखलनासताना ताचें वायटूय चिंतीनास्ताना दुख्ख सगले आपणेच भोगून स्वतंत्रताय मेळयली तरा संवसाराचे इतिहासांत आगळी वेगळी. देखून गांधीजीक अपरूप प्रकाराची होडविकाय आनी मान प्राप्त जाता.

'सत्वपरीक्षा'

सन् 1947 साला अगस्ट 15 तारखेक भारताक स्वतंत्रताय प्राप्त जाली. पुणून देशाची मात्र विभागणी जाली. ही ताटातूट गांधीजीक मान्य नासली. तांणी पूर्णपणे विरोध केल्लो. हिंदू मुसल्मान गोंदळ एका फाटी एक घडले; रगताचे व्हाळ व्हांवले. लाखानशी लोकांनी घरदार व्हगडायलीं. भाव-भयणी, नातेवाईक शेणून अनाथ जाले. पूर्वबंगाळाचे नवखाली आनी तिप्पेरा म्हळे थळार घडिल्ली नरहत्या आनी बायलांचेर चलिल्ले अत्याचार हाचेन मनीस कुळाकच कलंक लागलो. मनीस जणूं कांय राकेस जालो अशें दिसपा लागलें. गांधीजीन आपले जीविताचे पन्नासवर्सा परस चड तेप वैयक्तिक आनी समाजीक जावन चालींत हाडपाक निष्ठेन प्रयत्न केल्ली अहिंसा आनी प्रेम ह्या दोनींचो मूल हेतूच नश्ट जालो अशें दिसलें. दहशत बसयल्या हिंसक वाता

वरणांत आपलीच सत्व परीक्षा करून घेवपाचो निर्धार तांणी केलो. धर्मांधतेची कट्टरपणां आनी राजकीयाचें पिशें लागून चोंयवशीं आकांत भरिले वेळार गांधीजी एकटे एकसुरे शांतीदूत जावन संचार करीत हिंदू-मुसल्मानांचे काळजांत मित्रभाव, एकामेकांचे बरेंपण आनी दया भाव निर्माण करपाक वावुरले. तेन्ना तांका सतहत्तार वर्ष पिराय. खेडयांतल्यान खेडयांक, गांवगांवाक चलूनच गेले. दुख्खी लोकांचे समाधान केलें. सगल्यांक एकठांय जमोवन प्रार्थना सभा घडोवन हाडल्यो; उपदेश दिलो. एक मनीस देवत्वाचे कितले ऊंचायेचेर पावपा शकता हाची देख दिवपाक हाचे परस वेगळें निदर्शन खंय आसा?

सगलेकडेन शांती स्थापीत जाल्ली. दोनींय समुदायाचे लोकांक तांणी केल्लीं वायट कर्तुवांक लज

दिसपा लागिली. गांधीजी दिल्लीच्या बिर्ला भवनांत वास्तव्य करताले.

1948 साला जनवरी तीस तारीख. गांधीजी सदांच सांजेचें 5.30 क प्रार्थना सभा चलयताले. प्रार्थना हीच तांचे शक्तीचो खजीनो जावन आसली. त्या दिवस शुक्रार. सांजेचें सदाभशेन गांधीजी प्रार्थना सभेक वचपाक वाट चलत आशिले. गांधीजी मुसल्मानांचे पक्षपाती अशें समजल्लो नाथूराम विनायक गोडसे नांवाचे मनशान आपण हिन्दू धर्म वांचयता ह्या भ्रमेन गांधीजीक फार मारलो. तांचे मुकार येवन, नमस्कार करून तीन फावट्टी गुळी घाली.

हे राम! गीतधर्माचे काळीज फुटलें...... गांधीजी संवसाराक अंतरले.

ह्या शोकांतिकेन अख्खो संवसार दुख्खांत बुडलो. मनीसकुळाक बरी वाट दाखोवपी एक महाशक्त आतां अंतरली. जगभर शोक पातळलो.

गांधीजी वरवी मेळिल्ली गिरेस्तकायः

गांधीजीन भारताखातीर अपेक्षा केल्लें स्वराज्य, स्वतंत्रताय केवळ राजकीय स्वरूपाची न्हय. एक नवे समाजाक, नवीन नागरीकतेक, नावीन्यपूर्ण संस्कृतायेक निमित्त जावपी नवे व्यक्तीक ती स्वतंत्रताय एक साधन जावची अशें तांणी चिंतिलें. त्या तरेचे समाज वेवस्थेक गांधीजीन 'रामराज्य' – देवाचें राज्य अशें नांव दिलें. प्रेमच थंयचो नेम, थंय सगले कर्तव्यतत्पर. जात–पात, वर्ण–पंगड अशीं कांय भेध ना. धर्माचे नदरेनूय सगलें सारकेच. दर एकटो मेहनत करूनच जीयेता. बुद्दीचे

काम आसूं किंवा शरीराचो परिश्रम आसूं एक ऊंच एक नीच ही भावनाच आसची ना.

रामराज्यांत नशा हाडपी खंयचेय वस्तूक वाव आसचो ना. बायलां बुद्दल गौरव आसतालें. एएकलो सुद्दां लोक कल्याणाक लागून आपलें प्राणच ओपपाक तयार आसतालो. असली कल्याणकारी स्थितीच 'सर्वोदय' अशें तांणी घोशणा केली.

मनशान हेर मनशां बरोबर, एकंदर जीवरास आनी सैमा बरोबर जाणीव पूर्वक समरस जावन जीवन करप हेंच सर्वोदय.

गांधीजीक सर्वोदयाची साधना तांचे कर्तव्य जावन आशिलें. गोर गरीबांची सेवा गांधीजीक तांचे जीविताचे सार्थकतायेचो दिव्य अंश जावन आसलो. धर्म आनी नीती पासून पयस वचपी गिन्यान आनी गिरेस्तकाय

मनशाली पतनाची वाट अशें ते समजल्ले. मानव धर्माचे उत्थानाक लागून ते हुतात्म जाले.

जनतेचो फुडारी जावप हें व्हड काम. हेर मनशांक वाट दाखोवपाची शक्त आपण्यांत आसा की किदें हें परत परत भीड नास्ताना परीक्षा करून घेत उरपा जाय. आपण्याले पावलार पावल दवरून चलपी लोकांली कामां, चाल–चलवणूक हाची जवाबदारी अपलीच; सगल्यांक्र प्रभावीत करून आपण्याले उपदेशाक विरुद्‌ध तांणी वचपाचें न्हय हाचे बदल सादूर उरपा जाय. ही जवबदारी घेवपाक शकनाशिल्यान फुडारपणाचान पयस रावपा जाय. फुडार्‌याक ताचे अनुयायी सदां अनुसरण करतात देखून तांणे आपली आत्म विमर्शा करून घेवका आनी आत्मविश्वासान जीवित चलोवन संवसाराक पूर्णताये दिकान व्हरका – होच तांचो अमर संदेश.

गांधीजीन आमकां भारतीयांक आनी ह्या संवसाराक दिल्ली गिरेस्तकाय म्हळयार देवाचेर अनन्य विश्वास आनी प्रार्थना. प्रार्थना तांचे जीविताची दृष्टी. प्रार्थने बगैर आसपाक एक दिवस सुद्दां तांका साध्य नासलें.

"मौन प्रार्थना हीच म्हजी अत्यंत
शक्त-अस्त्र" अशीं म्हणा गांधीजी.
'रघुपती राघव राजाराम
पतित पावन सीताराम'

हें भजन आमचे कानार पडटकच आमकां गांधीजी मुजरत याद येतात. जें पतित आसा, तें पावन करचोच धर्म. ती दैवी शक्त. ताका खंयचे नांवान आपल्यार कितें? सगले एकच. सगल्यांक बरी बुद्द येवूं दी हें गांधी तत्व. गांधीजीन संवसार उजवाडायल्ली शाश्वत ज्योत.

'राम' हें गांधीजीलें तारक मंत्र जावन आशिलें. भुरगेपणांत भूत–पिशाच्यांक भिवपी गांधीक तांचे घरची वावराडी रंभान शिकोवन धीर भरिल्लें मंत्र – राम. सदां दीस–रात गांधीजी हें मंत्र पठण करताले. अखेर हत्यार्‌याची गुळी लागून जमनीचेर कोसळून भूमातेच्या मांडीर माथे तेंकले तेन्नां सुद्दां तांच्या तोंडांतल्यान सुटिले शब्द "राम ... राम".

विश्व कोंकणी

बालसाहित्य

माळा

कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान

₹ 20/- only